Akashvani Panaji Regional news 7.25 am 28th Dec 2025

RASHMI 115

स्पर्धा परीक्षाखातीर गोंयच्या तरणाट्यांनी तयारी करची. शिक्षणाशिवाय आयच्या काळात पर्याय ना.शिकतलो तोच टीकतलो. आयटी युगात शिक्षण हे फुडार घडोवपी महत्वाचे माध्यम आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. पर्वरे मराठा संकुलाच्या वास्तुचे उक्तावण केल्या उपरातं ते मुखेल सोयरे ह्या नात्यान उलयताले. युवा आनी महिला उद्देजक गोंयात चडान चड तयार जावचे, व्यसनमुक्त गोंय करपाक राज्यातल्या प्रत्येक सामाजान काम करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यान केला. शेतकी मळाक उर्बा दिवपाखातीर मुकार सरचे अशेय तांणी म्हणला. सासंकृतिक दायज, धार्मिक जतनाय करपाक जण एकल्यान जापसालदारीन वागचे अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय, आमदार चेद्रकांत शेट्ये, उल्हास नायक तुयेकार, तशेचं हेर मराठा समाजातले मानेस्त, समाज बांधव हाजीर आशिल्ले.कार्यावळीची सुरुवात छत्रपती शिवाजी म्हाराजाच्या पुतळ्याक फुलांचो हार घालुन ढोल ताश्याच्या गरजरात जाले.

सुशांत ५५

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स हांच्या वतीन दिवपी काशिनाथ दामोदर नायक प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार आज गोयांतल्यो उद्योजिका अंजू तिंबलो आणि भारतीय अमेरिकन उद्योगपती सचिन लवंदे हांका भेटयले. गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्सची प्रतिमा धोंड आणि काशिनाथ दामोदर नायक ट्रस्टचे अध्यक्ष दत्ता दामोदर नायक हांच्या हस्तुकी हे पुरस्कार भेटयले. हो सुवाळो मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतनच्या फोमेंतो सभाघरात जालो.

Rashmi

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू 27 आनी 28 डिसेंबराक गोंयांत येता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू 27 ते 30 डिसेंबर मेरेन गोंय, कर्नाटक आनी झारखंड भोंवडेर आसात.आयज

राष्ट्रपती गोंयाक भेट दितल्यो . फाल्या 28 डिसेंबराक त्यो कर्नाटकांतल्या कारवारांत पाणबुडी सफारी कर्तल्यो. 29 आनी 30 डिसेंबराक झारखंडांतल्या वेगवेगळ्या सांस्कृतीक कार्यावळींक आनी 'एनआयटी'च्या दीक्षांत सुवाळ्याक हाजीर रावून त्योमार्गदर्शनकरतल्यो.राश्ट्रपतीच्या गोंय भेटीच्या फाटभूंयेर गोंय येरादारी पुलीस विभागान ट्रॅफिक ॲडव्हायझरी जाहीर केल्या. हाका लागून दाबोळे विमानतळा सावन दोना पावला मेरेनच्या मार्गाचेर सगल्या प्रकारच्या वाहनां खातीर थारायिल्ल्या काळा खातीर येरादारी बंद आसतली. फकत आपत्कालीन वाहनांकच यो-वच करपाक मेळटलें.येरादारी पुलिसांच्या म्हणण्या प्रमाण, राष्ट्रपती आयज सांजवेळार दाबोळे विमानतळा वयल्यान दोना पावला मेरेन वतल्यो आनी फाल्या सकाळीं दाबोळे विमानतळार परतून वतल्यो . ह्या प्रवासा वेळार चिखली, कुठ्ठाळी, नवो जुआरी पूल आनी बांबोळे मार्गार दाबोळे ते दोना पावला रस्तो आजय काय वेलाखातीर बंद आसतलो जाल्यार फाल्या सकाळीं 7:30 ते 9:30 मेरेन बंद आसतलो. पूण ह्या काळांत एम्ब्युलन्स आनी हेर आपत्कालीन वाहनांक ह्या मार्गाचेर वचपाक मेकळीक आसातली. प्रवाशांच्या येरादारिक आद्खळ जावची न्हय हे खातीर प्रशासनान कांय पर्यायी वेवस्था केल्या. वेर्णाच्या बिर्ला क्रॉस जंक्शना वयल्यान दाबोळे विमानतळा मेरेन वचपा खातीर प्रवाशांक राष्ट्रीय म्हामार्ग 566 चो वापर करपाक सांगलां. तशेंच व्हीव्हीआयपी मार्गाचेर वाहनां उबीं करचीं न्हय अशी सुचोवणी दिल्या आनी वेगवेगळ्या सुवातेर येरादारी नियंत्रीत करून वळयतले. सुरक्षीत येरादारी खातीर पुलीस दळाक पुराय सहकार्य करचे असो उलो अधीक्षक (येरादारी) कार्यालयान केलां.

७५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशातल्य तशेच विदेशातल्या भारतीय लोक मुखार आपले विचार मान्द्तले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात' कार्यावळीचो हो 129वो वाटो आसा . हि कार्यावळ आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय air न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएनएअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच एअर न्यूज, डीडी

न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलाचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें. आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी हि कार्यावळ प्रसारीत जातली.

राजेश ५५

रवींद्र भवन साखळी हाणीं मास्टर दिनानाथ मंगेशकर जयंती निमित्तान 31 डिसेंबर 2025 या दिसा सांजवेळ 7:30 वरांचेर शास्त्रीय गायनाची कार्यावळ आयोजित केल्या

जाण 8५

ओंदू वर्सा राज्यातले रस्तो अपघात १२ टक्क्यांनी उणे जाल्यात जाल्यार अपघातात मरण येवप्यांचो आंकडो सुमार ६ टक्क्यांनी देवलां अशी म्हायती येरादारी पुलीसांनी दिल्या.

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान३2.8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 19.5 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

sports

फुडल्या वर्सा 15 जानेवारी ते 6 फेब्रुवारी मेरेन झिंबाब्वे आनी नामिबिया हांगा जावपी आयसीसी दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या विश्व करंड सर्ती खातीर भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळान 15 वांगड्यांचो पंगड जाहीर केला .